pradeshik khabro18.12.2025 @ 7.25 am

रश्मी 140

हडफड्या नाईट क्लबाचे धनी आनी घातक उज्याचे घडणुकेचे मुखेल दुबावीत सौरभ आनी गौरव लुथरा ह्या दोगा भावांक दील्लीच्यान गोयांत मोपा हांगाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार पुलिसांच्या खर देखरेखी खाला हाडले. विमानतळाची औपचारिकताय पुराय केल्या उपरांत आरोपींक शिवोली मुळाव्या भलायकी वैजकी तपासणे खातीर व्हेले आनी थंयच्यान तांकां उत्तर गोंय जिल्हो हॉस्पिटलांत फुडल्या वैजकीय चांचणेखातीर धाडला. वैजकी तपासणी उपरांत तांकां पुलिसांनी ताब्यांत घेवपा खातीर न्यायालयांत व्हरतले. हडफड्यात नाईट क्लबाच्या उज्यांत 25 जाणांक मरण आयील्ले. लुथरा भावांक हडफड्या उज्याच्या प्रकरणांत रिमांड कार वाये खातीर म्हापसा न्यायालयीन दंडाधिकारी पयल्या वर्गाच्या न्यायालयांत व्हेले.ह्या वेळार लुथरा भावांची परत नव्यान वैजकी तपासणी करपाचो आदेश न्यायालयान दिला. गोंयांत देंवल्या उपरांत थोड्याच वेळान छाती दुखप आनी अस्वस्थताय जाणवल्या खातीर दोगा मधल्या एकल्यान न्यायालयात सांगल्या उपरांत आता भलायकेची चांचणी करपाचो आदेश न्यायालयान दीला. इतले मजगती पुलिसांनी 10 दीस ताब्यांत घेवपाची मागणी केल्यान न्यायालयान लुथरा भावांक पांच दीस पुलिसांच्या ताब्यांत दवरला.

सुशांत 150

हडफडे हांगा जाल्ल्या उज्याचे दुर्घटने उपरांत पर्यटन व्यवसायात अशिल्ली हॉटेलां आनी क्लब हांची तपासणी जिल्हो प्रशासनाच्या समितीन हातात घेतिल्ली. काणकाेण लागसारच्या काब द राम ह्या वाठारांत आशिल्ल्या एका रिसॉर्टात सुरक्षेचे उपाय फावो त्या प्रमाणात नात हे लक्षात आयल्या उपरांत ह्या रिसाॅर्टाक सील मारिल्ले. आता ह्या रिसॉर्टात सीआरझेड आनी प्रदुशण नियंत्रण नेमाचो कसो किते भंग केला हाची तपासणी करपाखातीर सीआरझेड प्राधिकरण आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक जिल्हो प्रशासनान सांगला.
दक्षिण गोंयचे येणावळ विभागाचे उपजिल्होधिकारी रोहन लोलयेकार हांणी सीआरझेड प्राधिकरण आनी प्रदुषण नियंत्रण मंडळाच्या वांगडी सचिवांक पत्र बरोवन ही तपासणी करपाची विनवणी केल्या. ह्या रिसॉर्टान कितलो बेकायदेशीर विस्तार केला आनी त्याखातीर दर्यावेळ आनी पर्यावरणाचे कितले लुकसाण जाला हाची पळोवणी करची अशें ह्या पत्रात म्हळां.
इतले मजगती, दक्षिण गोंयांतली हॉटेलां आनी क्लब हांच्या सुरक्षा वेवस्थेची तपासणी करपाखातीर दक्षिण गोंयची जिल्होधिकारी ॲग्ना क्लिटस हांणी जी समिती नेमल्या त्या समितीन तिसांवयर आस्थापनांची तपासणी केल्या अानी आपलो अहवाल सादर केला अशी म्हायती दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयातल्यान दिल्या.

नेवी 60

भारतीय नौदलान गोयात दुसरे MH 60R हेलिकॉप्टर स्क्वॉड्रन INAS 335 लाँच केले . संरक्षण मंत्रालयान सांगले की MH 60R हे सगळ्या हवामानात, दिसरात काम करपी सक्षम हेलिकॉप्टर आसा जे पाणबुडी विरोधी झुज, पृष्ठभाग विरोधी झुज,सोद आणि बचाव, वैजकीय निर्वासन हे खातीर डिझाइन केला. हे हेलिकॉप्टर पश्चिम दर्या देगेर भारतीय नौदलाच्या अविभाज्य विमानचलन क्षमतांमदी लक्षणीय वाढ करतले. नौदल प्रमुख ॲडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हानी हे वेळार सांगले

रश्मी 100

SIR प्रकीयेउपरांत मतदार वळेरीचो मसुदो वेंचणुच आयोगान उजवाडायला अशी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल हांणी दीला. हे वीशी अधिक म्हायती दीतना तांणी सांगले की SIR प्रकीये उपरांत गोंयच्या वेंचणूक वळेरेंतल्यान 1,42,000 मतदारांचीं नांवां काडून उडयल्यात. जाल्यार 10.84 लाख मतदारांकडल्यान म्हण्ल्यार सुमार (91.56%) enumeration फॉर्म एकठांय केल्ले. तातूंतले 72,471 जाण स्थलांतरीत/अनुपस्थित, 25,574 मरण पाविल्ले तशेंच 1,997 प्रतिकृत नोंदणी केल्ली मेळ्ळी. 16 डिसेंबर 2025 ते 15 जानेवारी 2026 ह्या काळांत दावे आनी हरकती काळांत जर कोणाचे नाव ह्या मतदार वळेरीत सारखे करपाचे आसत जाल्यार अशा मतदाराक रीतसर प्रकीये उपरांत तांचे नांव परतून वळेरीत घालपाक मेळटले अशें मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल हांणी सांगलें.

रश्मी 70

गोवा विद्यापिठान 18 ते 22 डिसेंबर 2025 मेरेन चेन्नयच्या वेल’स इन्स्टिट्यूट ऑफ सायन्सांत जावपी ए.आय.यूच्या अखिल भारतीय इंटर युनिव्हर्सिटी योगासना दादल्यांच्या सर्तींत वांटो घेवपा खातीर निवड केल्या. पंगडां खातीर किट वितरण आनी निरोप कार्यावळ हालीच गोंय विद्यापिठाच्या खेळां विभागांत विद्यापिठाचे सहाय्यक बालाचंद्र जादर,हांच्या हाजिरेंत ही कार्यावळ आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तींत आशीष पाल, रजनीश शर्मा, रफीक करडगी, मासूम अलाउदीन आनी सौरभ गोराई ह्या विद्यार्थी खेळगड्यांनी वाटो घेतला.जाल्यार ह्या विद्यार्थ्यांक चिनमय जलमी हांणी प्रशिक्षण दीला.

खेळ 45

69 व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तींनी गोंय राज्य पंगदाची निवड करपाक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान फाल्या तारीख 18 डिसेंबराक सकाळी 10.00 वराचेर कांपाल पणजी □ांगा निवड चाचणी आयोजीत केल्या .

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १९.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला